## केंद्र सरकार भलायकी येवजण सेवा केंद्राचे उक्तावण

ता. 16 जानेवारी 2018
26 पौष 1939

आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी आयज बांबोळीच्या आकाशवाणी आनी दूरदर्शन कर्मचारी कॉलनी प्रकल्पात केंद्र सरकार भलायकी येजवण सेवा केंद्राचे उक्तावण केले.

हया भलायकी सेवा केंद्रातल्यान केंद्रीय कर्मचारी आनी तांच्या कुटुंबातल्या वांगडयाक, केंद्र सरकार पेन्शनधारकांक, आदले आनी आताचे खासदार, आदले राज्यपाल, आताचे आनी निवृत्त न्यायाधीश, स्वातंत्र्यसैनिक आनी रेल्वे मंडळाचे कर्मचारी आनी केंद्र सरकारचे वेतन घेवप्यांक भलायकी सेवेचो लाव मेळटलो.

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे, आमदार श्री. फ्रांन्सिस सिल्वेरा, आयुषमंत्र्यांचे सचिव श्री. स्वप्नील नाईक, ओएसडी श्री.के.के.सिंग, प्रोफेसर रामराव वाघ आनी सरपंच श्रीमती मारीया हयावेळार हजर आशिल्ले.

हया वेळार उलयताना श्री. नाईक हांणी केंद्र सरकारच्या कर्मचा-यांक बरी आरोग्य सुविधा घेवपाखातीर सबंद देशभर अशी भलायकी सेवा केंद्रा कार्यरत आसात. गोंयात सुरू जाल्ले अशा तरेचे हे 37 वे केंद्र आसा अशे तांणी फुडे सांगले.

श्री. राणे हांणी हया वेळार उलयताना अशा तरेचे भलायकी सेवा केंद्र गोंयात सुरू जाल्ले खातीर खोशी उक्तायली आनी हो एक बरो उपक्रम आसून तेखातीर सगळे तरेचे सहकार्य करपाचे आश्वासन दिले.

केंद्र सरकार भलायकी सेवा येवजणेचे संचालक श्री.डी.सी.जोशी हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. सहाय्यक संचालक डॉ. अनिल डोके हांणी उपकार मानले. गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे वैद्यकीय अधिकारी डॉ. दयानंद राव हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.